National News

Akashwani Panaji

08 November 2026 6.30 p.m.

Deewali

उजवाडाची परब दिवाळी देशभर आनी परदेशांत व्हडा उमेदीन मनयतात. वायटाचेर बऱ्याचे जैत मेळोवन दिवपी हो उत्सव दिवे पेटोवन आनी घरां सजोवन मनयतात. ह्या निमतान लोक लक्ष्मी आनी गणपतीची पुजा करतात आनी समृध्दी आनी उदरगतीची देवाकडेन मागणी करता

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशांतल्या नागरिकांक आनी परदेशांतल्या भारतीयांक दिवाळेंच्यो परबीं भेटायल्यात

ही दिवाळी दरेका घरांत सुख, शांती आनी समृध्दी हाडटली आनी लोकांमदी एकवट घटमूट करतले अशी आस्त सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री राधाकृष्णन हांणी उक्तायल्या

PM Bastara

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी छत्तीसगडांतल्या बस्तारांत सुरक्षा कर्मचाऱ्यां वांगडा दिवाळेंची परब मनयली. देशभरांत आनी परदेशांतले कोट्यानी भारतीय लोक दिवाळेचो उजवाडाचो उत्सव खोशीन आनी उमेदीन मनयतात अशें तांणी ह्यावेळार सांगलें.

राष्ट्राच्या शिमेची राखण करपी आनी देशांत शांतताय राखपी सुरक्षा कर्मचारी आपल्या कुटुंबांतले वांगडी आसात अशें जवानांक संबोधीत करताना सांगलें. एका काळार नक्सलवादाचो परिणाम जाल्लो बस्तर आतां सुरक्षा कर्मचाऱ्यांच्या त्याग आनी समर्पणाक लागून शांतताय आनी उदरगतीचो नवो युग पळोवंक लागला. राष्ट्राची राखण करपा खातीर वावुरपी सुरक्षा दळ आनी हेर कर्मचाऱ्यांच्या धैराचो, वचनबद्धतेचो आनी त्यागाचो हो परिणाम अशें मोदी हांणी सांगलें. तांणी केल्ल्या मोलादीक योगदानाची दखल घेवन तांचे वांगडा हो उत्सव मनोवपाचें आपूण थारायले अशें तांणी सांगलें.

Rajnath Singh

राखण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज सिक्किमांतल्या शेराथंग झुजाच्या स्मारकाचेर सैन्यदळाच्या जवानां वांगडा दिवाळी मनयली. राष्ट्र शांततायेन दिवाळी मनयता जाल्यार तें सैन्याक लागून अशें ह्या वेळार सुरक्षा दळांच्या शौर्याचो उगडास करून तांणी म्हणले. झुजाच्या स्मारकांक लागून देशांतल्या तरणाट्या पिळगेक उर्बा मेळटली तशेंच शेराथंग झुजाचो स्मारक राष्ट्रा खातीर सर्वोच्च बलिदान दिवपी हुतात्मा आनी झुजारी नायकांक आर्गा ओपता अशें तांणी सांगलें.

हे भेटी वेळार सैन्यदळ मुखेली धीरज सेठ आनी वरिश्ठ लश्करी अधिकारीय ताचे वांगडा हाजीर आशिल्ले.

Advani 100

भाजपा अध्यक्ष नितीन नबीन हाणी आयज नवी दिल्लींतल्या पक्षाच्या मुखेल कार्यालयांत भाजपाचो म्हालगडो फुडारी भारत रत्न लाल कृष्ण आडवाणी हाच्या शंबरव्या जल्मदिसाच्या निमतान कार्यावळींत वांटो घेतलो. राजकारणांत गरजेचीं आशिल्लीं स्वाभिमान, प्रामाणीकपण आनी संवेदनशीलताय हीं मुल्यां आत्मसात करपा खातीर तरणाट्या पिळगेन आडवाणीच्या व्यक्तिमत्व आनी जिवितांतल्यान प्रेरणा घेवची.

अटल बिहारी वाजपेयी आनी लाल कृष्ण आडवाणी हांच्या निर्धार, समर्पण आनी फुडारपणाक लागूनच देशभर पक्ष वाडला आनी विस्तारला आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी त्या प्रवासाक मुखार व्हरता अशे ह्या वेळार उलयताना नबीन हाणी म्हणाले.

IMD

भारत हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल वाठारांनी व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. फुडल्या दोन दिसांत आंध्र प्रदेश केरळम आनी माहे ह्या वाठारांनी गडगड मारू वीज पडपाची परिस्थिती आसतली अशें हवामान खात्यान सांगलां. फाल्यां मेरेन आंध्र प्रदेशांत खर वारें येवपाची शक्यताय

आसा मजगतीं, दिल्लीच्या प्रदुशण नियंत्रण मंडळान दिल्ली नोंद केल्या प्रमाण दिल्ली-एनसीआरांतल्या हवेचो दर्जो सामकोच वायट आसा

ईतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखवले राष्ट्रीय खबरपात्र तुमका आयकुपाक मेळटले फाल्या सकाळी 8 वरा जावन 40 मिनटांचेर. नमस्कार